०८.१०.२०२५ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दिल्लींत आशियांतल्या प्रिमियर टेलिकॉम अँड टेक इव्हेंट, इंडिया मोबायल काँग्रेस 2025 चें उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र भोंवडेर आसतले. ते राज्यात वेग वेगळ्या विकास प्रकल्पांचे उक्तावण करतले.

केंद्रीय मंत्रिमंडळाच्या आर्थिक व्यवहार समितीन २४ हजार ६३४ कोटी रुपयांच्या चार रेल्वे प्रकल्पांक मंजुरी दिल्या.

सरकारान थेट लाव हस्तांतरणां वरवीं 4 लाख 31,000 कोटी रुपयाची बचत केल्या, अशे अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें.

ब्रिटीश प्रधानमंत्री केयर स्टारमर आयज सावन दोन दिसांच्या भारत भोंवडेर येतले.

गुवाहाटींत जाल्ल्या बीडब्ल्यूएफ संवसारीक कनिष्ट मिश्र पंगड बॅडमिंटन सर्तींत भारतान आपलें वर्चस्व चालू दवरलें आनी गट एच मॅचींत श्रीलंकेक हारयले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राष्ट्रीय राजधानीं दिल्लींत आशियांतल्या प्रिमियर टेलिकॉम अँड टेक इव्हेंट, इंडिया मोबायल काँग्रेस (आयएमसी) 2025 चें उक्तावण करतले. चार दिसांची ही कार्यावळ आसतली. ह्या कार्यावळीचो विशय “Innovate to Transform” आनी आयएमसी 2025 चो हेतू दूरसंचार आनी डिजिटल तंत्रगिन्यानाच्या मळार आत्मनिर्भरताय आनी आत्मनिर्भर भारताक चालना दिवप असो आसा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र भोंवडेर आसतले. ते राज्यात वेग वेगळ्या विकास प्रकल्पांचे उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री मोदी सुमार

19,650 कोटी रुपया खर्चान बांदिल्ल्या नवी मुंबय आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण करतले. हो विमानतळ देशांतलो सगळ्यांत व्हडलो ग्रीनफील्ड विमानतळ प्रकल्प. हे भेटी वेळार सुमार 12 हजार 200 कोटी रुपयां खर्च करून बांदिल्ल्या मुंबय मेट्रो लायन-3 च्या फेज 2 बीचेंय प्रधानमंत्री उक्तावण करतले. ते पुराय मुंबई मेट्रो लायन 3चे राष्ट्रार्पण करतले हाचो एकूण खर्च 37,270 कोटी रुपयां मायज आसा. ही मेट्रो मार्गिका शारी वाहतूक परिवर्तनातलो एक महत्त्वाचा ट्प्पो थरतलो. प्रधानमंत्री मोदी भौशीक येरादारी ऑपेरेटरा खातीर भारताचो पयलो एकीकृत कॉमन मोबिलिटी ऐप, मुंबय वन सुरू करतले. ह्या ॲपा वरवीं प्रवाशांक जायत्यो सोय मेळटल्यो.

केंद्रीय मंत्रिमंडळाच्या आर्थिक व्यवहार समितीन २४ हजार ६३४ कोटी रुपयांच्या चार रेल्वे प्रकल्पांक मंजुरी दिल्या. ह्या प्रकल्पांत भुसावळ - वर्धा तिसरी आनी चवथी लायन, गोंदिया - डोंगरगड चवथी लायन, वडोदरा - रतलाम तिसरी आनी चवथी लायन आणि इटारसी - भोपाळ - बीना चवथी लायन हांचो आस्पाव जाता. ह्या प्रकल्पांची वट्ट लांबाय एक हजार 619 किलोमीटर आसा. नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळ बसके उपरांत खबराकारांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव उलयताले. Byte

सरकारान थेट लाव हस्तांतरणां वरवीं 431,000 कोटी रुपयाची बचत केल्या, अशे अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें. सीतारामन हाणी काल मुंबयंत जाल्ल्या ग्लोबल फिनटेक फेस्टिवलांत गिफ्ट सिटीत परकीय चलन सेटलमेंट सिस्टम सुरू केली. त्या वेळार त्यो उलयताल्यो. Byte

2029 वर्सा मेरेन तीन लाख कोटी रुपयांचें संरक्षण उत्पादन आनी 50 हजार कोटी रुपयांची संरक्षण निर्यात साध्य करपाचें लक्ष्य सरकारान थारायलां अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी नवी दिल्लींत संरक्षण उत्पादनांतल्या संदांचेर परिशदेंत उलयतना सांगलें. देशांचे संरक्षण उत्पादन एक लाख 50 हजार कोटी रुपयां परस चड जालां, जें 2014 वर्सा फकत 46 हजार कोटी रुपया आशिल्लें अशें सिंग हाणी

सांगले. संरक्षण निर्यातूय 24 हजार कोटी रुपया मायज जाल्या अशे तांणी सांगले.
Byte

ब्रिटीश प्रधानमंत्री केयर स्टारमर आयज सावन दोन दिसांच्या भारत भोंवडेर येतले. भारत-यूके व्यापक रणनिती भागीदारीच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी जाल्ल्या प्रगतीचो नियाळ स्टारमर आनी मोदी मुंबयंत 'व्हिजन 2035' च्या वेग वेगळ्या पैलूंनी घेतले अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां.तशेंच भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार कबलातीखाला संद सोदून काडपा खातीर दोनूय फुडारी वेवसाय आनी उद्देग प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादपाची आस्त आसा. प्रादेशिक आनी संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेरूय चर्चा जातली. तशेंच मुंबयंत जावपी ग्लोबल फिनटेक फेस्टाच्या सव्या आवृत्तींत प्रधानमंत्री मोदी आनी प्रधानमंत्री स्टारमर हाजीर रावतले.

उत्तर मुंबय भाजपा फुडारी गोविंद प्रसाद हांचे कागाळीची दखल घेवन केंद्रीय मंत्री पीयूश गोयल हाणी हालींच ओमानांतल्या 36 भारतीय कामगारांक संकष्टाच्या परिस्थितींतल्यान सोडवपा खातीर हस्तक्षेप केला. रोजगार सोदपाक ओमानांत गेल्ल्या ह्या कामगारांक पगारांत कळाव, घरांचो उणाव, पासपोर्ट जप्त करप आनी मालकांकडल्यान धमक्यो येताल्यो. ओमानांतल्या भारतीय दूतावासान थळाव्या अधिकाऱ्यांच्या सहकार्यान सगळ्या बाधित कामगारांक सोदले आनी भारतात परतचे पयलीं गुरूद्वारांत तात्पुरतो आलाशिरो दिवपाची वेवस्था केली. मंत्री गोयल हांणी आपल्या पंगडाक अशा प्रकरणांक प्राधान्य दिवपाचें निर्देश दिलें आनी परदेशांतल्या भारतीय कामगारांच्या सुरक्षे खातीर सरकाराच्या बांदीलकायेचेर भर दिलो.

राष्ट्रीय चांचणी संस्था (एनटीए) हांणी विद्यापिठ अनुदान आयोग राष्ट्रीय पात्रताय चांचणी, यूजीसी नेट डिसेंबर 2025 परिक्षे खातीर नोंदणी प्रक्रिया सुरू केल्या. इत्सूक उमेदवारांनी अधिकृत संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्या लिंक वरवीं राष्ट्रीय पात्रताय चांचणे खातीर अर्ज करूं येता. यूजीसीच्या अधिसुचोवणे प्रमाण नोंदणी प्रक्रिया 7 नोव्हेंबर मेरेन उक्ती उरतली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर उदेंतेतली राज्यां, मध्य महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या राज्यांच्या

कांय वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांत बिहार, ओडिशा, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत वादळी वाऱ्या सयत जगलां मारपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

गुवाहाटींत जाल्ल्या बीडब्ल्यूएफ संवसारीक कनिष्ट मिश्र पंगड बॅडमिंटन सर्तींत भारतान आपलें वर्चस्व चालू दवरलें आनी गट एच मॅचींत श्रीलंकेक 45-27, 45-21 अशे हारयले.

आयएसएसएफ संवसारीक सर्तीची सुरवात आयज ग्रीसांतल्या अथेन्स शारांत जाता. आशियाई ट्रॅप चॅम्पियन नीरू धंडा आनी ऑलिंपियन अनंतजीत सिंग नारुका, मैराज अहमद खान, रायझा ढिलोन हांचो आस्पाव आशिल्लो भारताचो 12 वांगड्याचो पंगड ह्या सर्तींत वांटो घेता.

ही आसा एक कळोवणी -

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर, कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 ऑक्टोबर आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.